राजश्री कामत  राष्ट्रीय खबरो  १६.१२.२०२५ @ ७.२५ am

गणेश

उत्तर गोंय जिल्हा े पंचायत अध्यक्षपद बायलां खातीर राखीव आसतलें. तशेंच दक्षीण गोंय जिल्हा पंचायतीचे उपाध्यक्षपद बायलां खातीर राखीव आसा. आरक्षणा विशीची अधिसूचोवणी जारी जाल्या.
जिल्हा पंचायती खातीर 20 डिसेंबराक मतदान जातलें. मतदान जाले उपरांत 22 डिसेंबराक मतमेजणी जातली. निकाल जाहीर जाले उपरांत अध्यक्ष तशेंच उपाध्यक्ष खातीर वेंचणूक जावन निवड जातली. उत्तर गोंय आनी दक्षीण गोंय जिल्हा पंचायती खातीर दरेकी 25 मतदारसंघ आसा. दोनूय जिल्हो पंचायतींच्या 50 मतदारसंघां खातीर 226 उमेदवार रिंगणात आसा.
प्रचार तेंगशेर पावला. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, हेर मंत्री, भाजपाचे आमदार आपआपल्या वाठारांत प्रचारात आसात. सत्ताधारी भाजपा सयत काँग्रेस, गोवा फॉरवर्ड, आपचे फुडारी लेगीत नेटान प्रचार करतात. 20 डिसेंबराक जावपा आशिल्ल्य उत्तर आनी दक्षिण गोंय जिल्हो पंचायत वेंचणुकेच्या फाट्भुयेर गोय सरकारान येता त्या २० तारकेक भर-पगारि सुटि म्हल्यारुच 'पेड हॉलिडे' जाहीर केल्या.ही सुटी राज्यांतले उद्देगीक कामगार; सरकारी खातें आनी राज्य सरकारी उद्देगीक खात्यांतले दिसपट्टे पगाराचे कामगार; राज्यांतल्या खाजगी आस्थापनांचे वेपारी आनी उद्देगीक कामगार; खंयच्याय वेवसायांत, वेपारांत, उद्देगीक उपक्रमांत वा हेर खंयच्याय आस्थापनांत काम करपी कामगाराखतिर तशेच जिला पंचायत भौशिक वेंचणुकेंत मतदान करपाचो हक्क आशिल्ल्या दरेक्ल्या खतिर आसतली.

नायडू 30

विमान भाड्याचेर बारीक नदर दवरपा खातीर डीजीसीए खाला काम करपी 'टॅरिफ मॉनिटरिंग युनिट आनीक घटमूट करतले अशें आयज राज्यसभेंत प्रश्नोत्तराच्या वराक पूरक प्रस्नांक जाप दितना केंद्रीय नागरी विमान येरादारी मंत्री राममोहन नायडू हांणी सांगलें byte

विजय

1971 वर्साच्या झुजांत पाकिस्तानाचेर भारतान जिकून मेळईल्ल्या जैताचो उगडास करपा खातीर आयज देशांत विजय दिवस मनयतात. दर वर्सा ह्या दिसा देशांत त्या धाडसी सैनिकांच्या सर्वोच्च बलिदानाची याद करपाक  देश हो  विजय दिवस मनयतात

महेश 140

विकासीत भारत - जी राम जी कायदो, 2025 हो वीस वर्सां आदल्या मनरेगांतलो एक व्हड बदल आसा. ह्या कायद्यांत विकसीत भारत 2047 कडेन जुळपी आधुनीक वैधानीक चौकट स्थापन केल्या, जी ग्रामीण कुटुंबातल्या  ज्या प्रौढ सदस्यांनी अकुशल शारीरिक काम करपाची तयारी दर्शयल्या,  तांका१२५ दिसांच्या मजुरीच्या रोजगाराची हमी दिता.   ह्या कायद्याचो हेत चार प्राधान्य क्षेत्रां वरवीं रोजगार आनी टिकावू ग्रामीण मुळावी बांदावळ निर्माण करप आसा  तशेच हाची काय ठळक वैशिष्ट्या म्हण्ल्यार उदका संबंदीत कामांची सुरक्षीतताय, मुळावी ग्रामीण बांदावळ, उपजीविकेकडे संबंदीत मुळावी बांदावळ,  अत्यंत तीव्र हवामानांतल्या बदलांच्या घडणुकांचें प्रमाण उणें करपा खातीर खाशेली  कामा  अशी तरेकवार आसा. नवो कायदो मनरेगा परस कसो वेगळो आसा? कित्याक बरो तर नवो कायदो मनरेगा परस व्हड सुदारणा आसा, संरचनात्मक दुबळेपणां पयस करप  आनी रोजगार, पारदर्शकता, नियोजन आनी जापसालदारकी वाडोवप तशेच  चड रोजगार हमी जी  100 दिसां वयल्यान 125 दिसां मेरेन वाडयल्या, जाका लागून गांवगिऱ्या घरांक चड उत्पन्नाची सुरक्षीतताय मेळता

रश्मी 70

विज्ञान, तंत्रज्ञान खाते आनी गोंय कोयर वेवस्थापन म्हामंडळाच्या जोड पालवान सातवो सर्गेस्त मनोहर पर्रीकार विज्ञान महोत्सव अंदू 18 डिसेंबराक 9 थळांचेर जातलो. विद्यार्थ्यां खातीर 9 थळांचेर वैज्ञानिकांची व्याख्याना जातली. सकाळी णव ते दनपार

देड मेरेन कार्यावळ जातली. हे वेळार आयआयएसी बंगळूरचे डॉ. साई गौतम गोपाळकृष्णन हांका मनोहर पर्रिकार युवा वैज्ञानिक पुरस्कारान सन्मानित करतले, अशी म्हायती महोत्सव समितीचे अध्यक्ष जुझे नरोन्हा हांणी दिली. विद्यालयीन, उच्च माध्यमीक तशेच म्हाविद्यालयीन विद्यार्थ्यां खातीर कार्यावळी जातल्यो.

सुभाष 70

राज्यातल्या माध्यमिक शाळांनी चलपी वेगवेगळ्या शिक्षणीक उपक्रमांक उर्बा मेळची ह्या हेतान 'सेलेब्रेटींग स्कुल लिडरशीप' कार्यावळ चालीक लावपाक प्राचार्यांनी मुखार येवंचे अशें आवाहन गोंय राज्य शिक्षण प्रशिक्षण आनी संशोधन मंडळान केलां. नवी दिल्लीच्या 'शाळा फुडारपण केंद्रान' २०१८ -१९ वर्सा सावन ही मोहीम चालू केल्या. आपल्या शाळेंत चलता ते उपक्रम व्हिडीयो फॉर्मेटांत नवी दिल्लीतल्या निपा केंद्राक धाडून दिवंचे अशे गोंय राज्य शिक्षण प्रशिक्षण आनी संशोधन मंडळाच्यो संचालक मेघना शेटगांवकर हांणी सांगलां.

स्पोर्ट्स 25

19 वर्सां सकयल्या आशिया कप क्रिकेटांत आयज दुबयच्या सेव्हन्स स्टेडियमांत भारत आनी मलेशिया आनी मलेशिया हांचे मदीं तिसरे गट स्टेज मॅचींत सामनो जातलो. मॅच सकाळीं 10:30 वरांचेर सुरू जातली.

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३३.८ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 19 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले. हलके ते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन म्हणला